# Akashvani Panaji
# Regional News

**1920 PM** **25th Jan 2026**

गोंय राज्य कायदेशीर सेवा प्राधिकरणान घुवळी वखदांच्या दुरुपयोगाचो समजाक नशेचो धोको" ह्या विशयाचेर गोंयात 30 दिसांची खाशेली जागृताय मोहीमचो समारोप सुवाळो आयज कला अकादमीच्य मास्टर दिनानाथ मंगेशकार सभाघरात जालो.ह्यावेळारसर्वोच्च न्यायालयाचे मुखेल न्यायाधीश सूर्य कांत आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्तांनी हाजीर आशिल्ले. Zero tolerance to drug meance ह्या संकल्पाचेरं आधारीत हो उप्रम आयज सोपलो.गोंय पुलिशेचे घुवळी वखदा विरोधी विभाग ड्रग्स वेव्हारा आड निर्णायकपणान वागतात, अटक करतात आनी तांचे नेटवर्क नश्ट करतात अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेलरा म्हळा. घुवली वखदा तरमाट्या पिळगेचो फुडार पेड्यार करता शे तांमी ह्यावेळार म्हणला. ड्रग्स वेपारांत संबंदीत आशिल्ल्या कोणाकूय तडजोड करिनासतना खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार दिला. ड्रग्स जागृताय मोहिमेक लागून लोकांक ड्रग्साचो दुरुपयोगाचे गंभीर धोके समजून घेवपाक मजत जाल्या अशें तांणी म्हणले.**Byte- cm**भारताचे मुखेल न्यायाधीश न्यायाधीश सूर्य कांत हांणी सांगले की म्हयनोभर चलपी ड्रग्स विरोधी जागृताय मोहीम फकत समारोप सुवाळो न्हय तर जागृताय, आळाबंदा हाडप आनी पुनर्वसन करपाचो हेतू आशिल्लो अर्थपूर्ण संवाद आशिल्लो. गोंयभरांतले विद्यार्थी, कुटुंबां, शाळा, म्हाविद्यालयां, संस्थांनी ह्या मोहिमेत वांटो घेतिल्लो .विद्यार्थ्यांच्या सृजनशील सहभागांतल्यान राज्याचें दायज, लवचीकपण आनी ताचे अस्मितायेचो अभिमान दिसून येता अशें तांणी नदरेक हाडलें. सरकार घुवळे वखदां विशीं कसलेच तरेची तडजोड करिना आनी घुवळे वखदां आड जागृताय आनी कारवाय सुरूच रावतली, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. नशा मुक्ती आनी सुरक्षीत गोंयां खातीर सगल्यांनी येत्न करचें, अशें तांणी म्हणले. राज्य कायदो सेवा प्राधिकरणा वतीन आयोजीत घुवळे वखदां विरोधी जागृताय मोहिमेच्या समारोप सुवाळ्यांत ते उलयताले.घुवळे वखदांची समस्या ही फकत गुन्यांवकारी स्वरूपाची न्हय. ती समाजीक, मानसीक आनी भलायकेची समस्या आशा अशें सरन्यायाधीश न्या. सूर्यकांत हांणी म्हणले. आयतारा कला अकादमीत जाल्ले कार्यावळीत न्यायाधीश जे के महेश्वरी, न्या. मनमोहन, न्या. चंद्रशेखर, न्या. सुमन श्याम, न्या. वाल्मिकी मेनेझिज आनी हेर

अधिकारी हाजीर आशिल्ले.सरन्यायाधीश सूर्यकांत हांणी, गोंय विधी कायदो सेवा प्राधिकरणाच्या जागृती मोहिमेन घुवळे वखदांची समस्या फकत दंडात्मक स्वरूपाची न्हय हें सिद्ध केलां. घुवळी वखदां हें खंयचोच आवाज करिनासतना जिणेंत, समाजांत रिगून ताका जीण उध्वस्त करता. हांंवे चाळीस वर्सांचे कारकीर्दीत न्यायदान पद्धतींतले बदल पळयल्यात. न्याय दितना करुणा, दया आसप गरजेचें. करुणे बगर न्याय हो अन्याय थारता, अशेंं सरन्यायाधीय सूर्यकांत हांणी सांगलें.

लोक भलायकी विंशी आता सादुर जाल्यात. सा काळात आर्युवेदा उपचार पध्दत महत्वाची थारतली अशे मत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हंणी व्यक्त केला, कुड, मन, आहार, आनी जीवनशैली घटमुट दवरपाक आर्युवेदा महत्वाची थारतली.संसारात आर्युवेदा चिकीत्सेचो वेगान प्रसार जायत आसा. आर्युवेदाचे कसलेच वायट परीणाम जायना हो ह्या उपचार पद्दतीचो महत्वाचो भाग .प्रचील भलायकी उपचार पद्दत आशिल्ले आर्युवेदाच्या दोतोरांक परजळीत फुडार आसा, तशेच आर्येवदाच्या माध्यमातल्यान एक सशक्त आनी घटमुट पिढी सारारुंक शकता,, मानिसित दुयेसांक लेगीत पयस करपाक आर्युवेदा महत्वाची थारतली अशे मुखेलमं६ दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गंयांत सैम, प्रदुशण विरीयत वातावरण , तशेच पर्यटन आसा , ताका लागुन गोंय हे एक महत्वाचे वेलनेस केंद्र जावपाक शकता अशे मत ह्यावेळार मुखेलमत्र प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.ndia International e ayurveda expo and summit चो समारोप साळो आयज श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमचेरं जाले. ह्या समिटात 57 exibitors, innoveteros, manufacturers, start ups कंपन्यांनी, तशेंच विदेशी आनी देशी आर्युवेदा तज्ञ 50 वक्त्यांनी वाटो घेतिल्लो. ह्यावेळार आर्युवेदा विंशी 350 संशोधन पेपर सादर जाले,जाल्यार संशोधन, आर्युवेदा अकादमी, तशेंच आर्युवेदाचे नाविन्य सोध घेतिल्लया खातीर पाच जमांक पुरस्कार फावो जाले. ह्या एक्सोपोत 3100 जाण प्रतिनीधीनी वाटो घेतिल्लो, जाल्यार मंगळुर , बंगळुर, बेळगांव , जोधपुर, हरीद्वार, उत्तर प्रदेशातले आर्युवेदा शिक्षण घेवपी विद्यार्थी तसेचं शिक्षकंनी वाट घेतलो. हे शिवाय सात हजार लोकांनी ह्या एक्सोपोचो लाव घेतला. १२ ओपीडीनी ५०० तज्ञ दोतोरांनी सेवा दिली. हे शिवाय योगा सत्र, अग्निहोत्र, सारखी स६ जाली .

ह्यावेळार केंद्रिय अक्षय उर्जा राज्य मं६ श्रीपाद नायक, राज्यसभेचेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे, दोतोर मीनल जोशी, तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.हो एक्सो २३-२५ जानेवारी ह्य काळात आयोजित केल्लो. जाल्यार एक्सोपक उपाट

प्रतिसाद मेळ्ळा. तशेचं  हो एक्सपो दर वर्सा गोंयात ह्यानफुडे आयोजित करतले सी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केला.

कला अकादमी वाठारात भरील्ल्या लोकोत्सवातल्या दुकानाक उज्याची घडणूक जावन लुकसाण जावंचे न्हय म्हूण उजो पालोवपी दळान फावो ती वेवस्था केल्या अशी म्हायती ह्या दळाच्या वडील अधिकाऱ्यांनी दिल्या. उजो पालोवपी दळाचे १५ जवान तशेंच दोन गाडयो हांगा कायम स्वरूपी तैनात केल्यात अशें उत्तर गोंय उजो पालोवपी दळाच्या अधिकाऱ्यांनी सांगले. उज्याची घडणूक घडची न्हय म्हूण ओंदू दुकानांचो आंकडो उणो केला. दुकाना उबारताना वापरतात ते सामान उजो लागता अशें आसू नये अशें सगळ्या दुकानदारांक सांगला अशीय म्हायती उजो पालोवपी दळान दिली. लोकोत्सवात फिरून मदींच सगळे सारके आसा काय ना ? वा सगळ्या दुकानदारानी फावो ती जतनाय घेतल्या काय ना तें तपासतले अशेंच ह्या अधिकाऱ्यांनी सांगले.

राष्ट्रीय मतदार दिसाच्या निमतान फाल्या सकाळी धा वरांचेर फोणेच्या राजीव गांधी कला मंदिरात विद्यार्थ्यां खातीर खासा जागृताय कार्यावळ जातली. ह्या कार्यावळीक राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू उपस्थित रावतले अशी म्हायती दक्षीण गोयच्या अतिरिक्त जिल्होधिकाऱ्यांनी एका परिपत्रका वरवी दिल्या. लोकशाहीची तत्वां , महत्व तशेंच मतदानाचे महत्व पटोवन दिवपी ह्या कार्यावळीक चडान चड ' पयले फावट मतदान करपी ' मतदारांनी हजेरी लावंची अशें आवाहन शिक्षक संचालनालयान केलां.

भारत उर्जा सप्तक 2026 ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखे सावन गोंयांत जातलें. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत जाल्ले उक्तावण परिशदेंत उलोवप करतना पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलें की आयईडब्ल्यू 2026 हें उर्जा सुरक्षा, अर्थीक वाड आनी शाश्वतता हांचे खातीर भारताच्या वचनबद्धतेचें प्रतिबिंब आसा.

अपुर्व प्रकाशन मंगेशी आयेजीत सर्गेस्त संजीव वेरेंकार यादस्तीक तिसरे अखील भारतीय कोंकणी कविता लेखन सर्तीचो निकाल जाहीर जालो.सर्तीतलें 5000/- रूपयाचें पयलें इनाम. उदय गुडे (गोंय) हांचे “असहाय्य” हे कवीतेक फावो जालें.जाल्यार 3000/-दुसरें इनाम टी. उमेश भट (कोची) हांचे "मरणाचें अनुभव

निमश" हे कवीतेक फावो जालें. 2000/- तीसरें इनाम जितेद्र फडटे (गोंय) हांचे" देवा तांका माफ कर" हे कवीतेक फावो जालें.ते भायर उमेद वाडोवपी 1000/- दोन इनामां जोडपी कवी अशें आसात. पयलें उमेद वाडोवपी इनाम सारंग मेळेकार (सांगे) हांचे "आमी आदिवासी" कवीतेक फावो जालें. तर सर्तीतले दसरें उमेद वाडोवपी इनाम शितल नंदकुमार परब (पेडणे) हांचे “कावळो अजूनय उडटा" हे कवीतेक फावो जालें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३३.7 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १९.6 औंश  सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३३.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे १9.६ औंश  सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

गोंय आनी बडोदा ह्या पंगडां मदली 23 वर्सा पिराये सकयली सी के नायडू अ गटांतली चार दिसांची मॅच दुसऱ्या दिसा उमळशीक वाडोवपी स्थितींत पावली.सांगेंच्या जीसीए मैदानाचेर मॅच चालू आसा. बडोदा पंगडाचो पयलो डाव 6 बाद 275 धांवड्यां वयल्यान 298 धांवड्यांचेर सोंपयल्या उपरांत गोंय पंगडान दुसऱ्या दिसाचो खेळ सौंप मेरेन 9 विकेटी व्हगडावन 221 धांवड्यो केल्यात. अशे तरेन गोंय अजून 77 धांवड्यांनी फाटीं आसा